# अखिल गोंय गोठो सजावट सर्त

ता. 20 नाव्हेंबर 2017
29 कार्तिक 1939

कला आनी संस्कृती संचालनालयान 26 ते 31 डिसेंबर 2017 मेरेन गोंयात राज्य पातळीचेर गोठो सजावट सर्तीचे आयोजन केला.

गोठो सजावट सर्त संस्था/पंगड/क्लब वा पॅरीशर आनी वैयक्तीक घरा/कुटुंबाखातीर आयोजित करतले. संस्था/पंगड गटात पयले रू.25,000, दूसरे रू.20,000, तिसरे रू.15,000 आनी प्रत्येकी 7000 ची पाच उमेद वाडोवपी इनामा दितले. जाल्यार वैयक्तीक/ कुटूंब वर्गात पयले रू.15,000, दूसरे रू.10,000, तिसरे रू.7500 आनी प्रत्येकी 5000 ची पाच उमेद वाडोवपी इनामा दितले.

इत्सूकांनी हे सर्तीत वाटो घेवपाखातीर 22 नोव्हेंबर सावन कला आनी संस्कृती संचालनालय पाटो-पणजी, रविंद्र भवन मडगाव, कुडचडे, बायणा वास्को हांगाच्यान प्रवेश अर्ज मेळोवचे आनी ते भरून 11 डिसेंबर 2017 मेरेन सूपूर्द करचे. उसरा आयिल्ले अर्ज स्वीकारचे नात.